**<u>प्रजासत्ताक संचलनाक हजर रावपाक आदिवासी सदस्यांकडल्यान अर्ज मागयल्या</u>**

ता. 29 सप्टेंबर 2022

केंद्रीय आदिवासी वेव्हांर मंत्रालयान नवी दिल्लीत 2023 च्या प्रजासत्ताक दीस संचलन सुवाळ्याक हजर रावपा खातीर गोंय राज्यातल्या खास करून बीपीएल वर्गातल्या दोगा अनुसूचीत जमातीतल्या प्रतिनिधीक (एक दादलो आऩी एक बायल) आमंत्रीत केला.

निवड जाल्ल्या व्यक्तिंक पारंपरीक भेसात प्रजासत्ताक दीस संचलन सुवाळ्याक हजर रावचे पडटले आनी नवी दिल्लीत 22 जानेवारी ते 2 फेब्रुवारी 2023 मेरेन राबीतो करचो पडटलो. गोंय ते दिल्ली यो-वच करपाचो खर्च तशेंच जेवणा-खाणाचो आनी निवासाचो खर्च राज्य सरकार करतले.

गोंय राज्यांतल्या पात्र आनी जांची पिराय साठ वर्सां वयर ना अशां व्यक्तिंनी आपले नामांकन विहित नमुन्यात संचालक, आदिवासी कल्याण संचालनालय, श्रमशक्ती भवन, 5वो माळो, पाटो-पणजी हांगा 30 सप्टेंबर 2022 मेरेन सुपूर्द करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/585

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji